# मडगांवा जिल्हा पांवड्याचेर मुक्ती दीस मनयलो

ता. 19 डिसेंबर 2021

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी मडगांवा माथानी साल्डाणा प्रशासकीय प्रकल्पात आयोजीत जिल्हा पांवड्यावयल्या 61व्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळयात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो आनी पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली.

सुवाळयात उलयताना श्री. कवळेकर हांणी गोंय सरकारान आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय उपक्रमा वरवीं कृशी क्षेत्राच्या विकासाचेर भर दिल्ल्याचे सांगले. तशेंच रस्ते, पूल आनी हेर साधनसुविधां निर्माण करून मानवी विकासाचेरय भर दिल्ल्याचे सांगले.

शेतकी खात्यावतीन शेतकारांच्या फायद्याखातीर अनेक येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. शेतकारांनी ह्या येवजणांचो लाव घेवन आपले शेती उत्पादन वाडोवपाची गरज आसा. गोंयांक स्वयंपुर्ण करपा खातीर सरकारावतीन वेगवेगळया वेवसायाखातीर उर्बा दितात, अशें तांणी सांगलें.

उपमुख्यमंत्र्यान गोंयच्या लोकांक मुक्ती दिसाची परबीं भेटयली आनी गोंय मुक्ती खातीर स्वातंत्र सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाचो उगडास करून तांकां नमन केले. तशेंच तांणी राज्याच्या सर्वांगी उदरगती खातीर लोकांनी सरकाराच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाचोय उलो मारलो.

उपमुख्यमंत्र्याक सुवाळयाच्या स्थळार जिल्हाधिकारी श्रीमती रूचीका कात्याल आनी पुलीस अधिक्षक श्री. अभिषेक धानीया हांणी येवकार दिलो.

ह्या वेळार जाल्ल्या संचलनात गोंय पुलीस, गृहरक्षक, गोंय मानव संसाधन विकास म्हामंडळ सुरक्षा रक्षकांचो पंगड, रोझरी कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय, नावेली, दामोदर वाणिज्य म्हाविद्यालय, मडगांव, एमआयबीके हायस्कुल, फोंडे, जवाहर नवोदय विद्यालय, काणकोणच्या विद्यार्थ्यांनी संचलनात वाटो घेतलो.

सुवाळयाक राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुळकर, आमदार श्री. चर्चील आलेमांव, श्री. विल्फ्रेड डिसा, श्री. क्लाफासियो डायस, मडगांव नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. लिंडन पेरेरा, केपे नगरपालिकेच्यो नगराध्यक्ष श्रीमती सुचीता शिरवईकर, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. सुरेंद्र नाईक, सरकारी अधिकारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक सुवाळयाक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1060

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji